TRANSLATED COPY

**(इंग्लीशींत टंकलिखीत केल्ल्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी अणकार)**

याचिकादारः

शीला बारसे

विरुद्ध

प्रतिवादीः

महाराष्ट्र राज्य

न्यायनिवाड्याची तारीख 15/02/1983

खंडपीठः

पी. एन. भगवती

खंडपीठः

पी. एन. भगवती

आर. एस. पाठक,

अमरेंद्र नाथ सेन, (न्या.)

उद्धरणः

1983 एआयआर 378 1983 एससीआर (2) 337

1983 एससीसी (2) 96 1983 एससीएएलई (1) 140

अधिनेमः

गरिबांक कायदेशीर मजत- गरिबांक कायदेशीर मजत दिवपाचें म्हत्व समजायलें- गरीब कैद्यांक कायदेशीर मजत दिवपा खातीर बंदखण अधिकारिणी आनी पुलिसांक निर्देश दिले.

मुखेल टीपः

मुंबई मध्यवर्ती कैदखान्यांत आपणें मुलाखत घेतिल्ल्या पंदरा पैकीं पांच बायल कैद्यांनी, पुलीस लॉक-अपांत पुलिसांनी मारहाण केल्ली आनी खास करून तातूंतल्या दोगांनी लॉक-अपांत मारहाण आनी छळ केल्ल्याचो आरोप केल्लो अशें याचिकादार, पत्रकार, हांणी ह्या न्यायालयाक उद्देशून बरयल्ल्या पत्रांत म्हणलां. न्यायालयान ह्या पत्राक रीट याचिका मानून, रीट याचिका मान्य किद्याक करची न्हय, हाचीं कारणां दाखोवपा खातीर सगळ्या संबंदितांक कळोवणी दिली. मजगतीं, दुसरो कोणूच उपस्थीत नासतना बायल कैद्यांच्यो मुलाखती घेवप आनी याचिकाकर्तान केल्ले आरोप खरे आसात काय ना हें तपासपाचे निर्देश मुंबईच्या निर्मला निकेतन, समाज कल्याण म्हाविद्यालयाच्या संचालकाक दिले. हेर गजालीं वांगडाच बायल कैद्यांक कायदेशीर मजत दिवंक फावो तशी वेवस्था ना आनी दोन विदेशी नागरीक आशिल्ल्या कैद्यांनी, एका वकिलान तांची फसवणूक केल्ली आनी लुबाडिल्ले अशी तक्रार केल्ली आनी तांचे कडल्यो अर्द्यो वस्तू आनी दागिन्यांचो वापर अयोग्य रितीन केल्लो आनी वकिलाच्या

शुल्काची फारीकणी म्हूण त्यो वस्तू ते आपले कडेन दवरतात, अशें ताणें आपल्या प्रतिकथनांत सांगलें अशें संचालकान, तिच्या अहवालांत नमूद केल्लें.

याचिका निकालांत काडटना न्यायालयान सकयल दिल्ल्या प्रमाणें निर्देश दिलेः

अटक केल्ल्या आरोपीक आनी ताची जीण वा वैयक्तीक स्वातंत्र धोक्यांत घातलां अशा गरीब वा निराधार आरोपीक कायदेशीर मजत दिवप ही संविधानाच्या अनुच्छेद 39 ए सयत अनुच्छेद 14 आनी 21 प्रमाणें, संविधानीक अनिवार्यतेची सक्ती घालता. ही न्याया खातीर अनिवार्य बाब आसा आनी ती जंय दिना, थंय अन्याय जावपाची शक्यताय आसता आनी अन्यायाची दरेक कृती लोकशाय आनी कायद्याच्या शासनाचे बुन्यादीचेर परिणाम करता. कैदखान्यांतल्या कैद्याक आपूण निर्दोश आसा हें सिद्ध करूंक वा संविधानीक वा कायदेशीर अधिकारांचें रक्षण करूंक वा छळ आनी ताच्या परिरक्षका कडल्यान जावपी जुलूम आनी सतावणुके सावन संरक्षण करूंक कोणा कडेन वचप हें खबर नासपाची शक्यताय आसता. ताका वा ताच्या कुटुंबांतल्या वांगड्यांक हेर कसल्योय समस्या आसूंक शकता हाचीय शक्यताय आसूंक शकता, जंय कायदेशीर मजतेची गरज पडूं येता पूण कैद आशिल्ल्यान, जरी अशक्य नासले तरी, योग्य कायदेशीर सल्लो वा मजत मेळोवंक ताका वा ताच्या कुटुंबांतल्या वांगड्यांक कठीण जावंक शकता. ताका लागून, न्यायीक चवकशी अधीन आशिल्ल्या वा दोश सिद्ध जाल्ल्या कैद्यांक बंदखणींत आसतनाच कायदेशीर मजत उपलब्ध करून दिवप गरजेचें आसा.

महाराष्ट्रांतल्या बंदखण म्हानिरिक्षकान महाराष्ट्रांतल्या सगळ्या कैदखान्याच्या अधिक्षकांक एक परिपत्रक जारी करूंक जाय आनी जंय कैदखाने आसात त्या दरेका जिल्ल्यांतल्या कायदेशीर मजत समितीक धाडपाची गरज आसाः (i) न्यायीक चवकशी अधीन आशिल्ल्या कैद्यांच्या प्रवेशाची तारीख, गुन्यावांचें स्वरूप दाखोवपी बायल आनी दादलो कैद्यांची वेग-वेगळी वळेरी आनी (ii) पंदरा दिसां परस चड काळ कैदखान्यांत आशिल्ल्या फौजदारी प्रक्रिया संहितेच्या कलम 41 खाला दुबावा वयल्यान अटक केल्ल्या व्यक्तींचो तपशील दिवपी वळेरी. परिपत्रकांत मुखार दिल्ले निर्देशूय आसूंक जायः (i) संबंदीत जिल्लो कायदेशीर मजत समितीन नामनिर्देशीत केल्ल्या वकिलांक कैदखान्यांत प्रवेश दिवपाची सुविधा करप आनी तांची मजत घेवंक ज्या कैद्यांची इत्सा आसा तांची मुलाखत घेवप; (ii) कायदेशीर मजत समितीन नामनिर्देशीत केल्ल्या वकिलांक कैदखान्यांत आशिल्ल्या कैद्यां संबंदीत कसलेय माहितीची गरज आसल्यार ती दिवप; (iii) ज्या कैद्यांक वकिलांची मजत घेवची आसा तांकां तांच्या समुपदेशन सेवांचो लाभ घेवंक मेळचो म्हूण संबंदीत जिल्लो कायदेशीर मजत समितीन नामनिर्देशीत केल्ले वकील विशिश्ट दिसा कैदखान्याक भेट दितले अशी कळोवणी कैदखान्यांतल्या मुखेल सुवातींचेर लावप; (iv) खंयच्याय कैद्याक अशा वकिलांक मेळपाची परवानगी दिवप. अशी मुलाखत कैदखान्यांतल्या खंयच्याय अधिकाऱ्याक नदरेंतल्यान दिसता, पूण आयकुपाक येना अशी आसूंक जाय.

ह्या न्यायालयान आनी उच्च न्यायालयान ह्या संदर्भांत घालून दिल्ल्या कायद्याची अंमलबजावणी योग्य तरेन आनी रितीन जाता काय ना आनी कायदेशीर सहाय्य मेळोवपाची इत्सा व्यक्त केल्ल्या कैद्यांची मुलाखत घेवपा खातीर कांय

वकिलांनी पंद्रशींत एकदा कैदखान्याक वा कैदखान्यांक भेट दिवंक तांचें नामनिर्देशन करपाची सुचोवणी महाराष्ट्र राज्य कायदेशीर मजत मंडळान जिल्लो कायदेशीर मजत समितीक करूंक जाय. ह्या निर्देशांची अंमलबजावणी योग्य रितीन जाता काय ना हाची खात्री करपा खातीर राज्य मंडळान जिल्लो कायदेशीर मजत समित्यां कडल्यान नेमान अहवाल मागोवचो.

न्यायालयान सकयल दिल्ले निर्देश दिल्यातः

(i) फावो अश्या बऱ्या सुवातांनी फकत बायल कैद्यांक दवरचे खातीर चार ते पांच पुलीस लॉक-अप निवडचे आनी बायल कॉन्स्टेबलांनी तांचेर नदर दवरची. जातूंत दादलो दुबाविताक दवरला त्या पुलीस लॉक-अपांत बायल दुबावीत कैद्यांक दवरूंक जायना.

(ii) बायलांची चवकशी बायल पुलीस अधिकाऱ्याचे /कॉन्स्टेबलाचे उपस्थितींत जावंक जाय.

(iii) अटक केल्ले व्यक्तीक ताका अटक किद्याक केल्या हाचीं कारणां ताबोडतोब कळोवप गरजेचें आसा. जामिना खातीर अर्ज करपाचो हक्क ताका आसा हें रोखडेंच ताका कळोवंक जाय. महाराष्ट्र राज्य कायदेशीर मजत आनी सल्लो मंडळान अटक केल्ले व्यक्तीचे कायदेशीर हक्क सांगपी पुस्तिका रोखडीच तयार करून घेवची. मराठी, हिन्दी आनी इंग्लीश भाशेंत पुस्तिका आसूंक जाय. ह्या सगळ्या भाशांतले पुस्तिकेच्यो छापिल्ल्यो प्रती दरेका पुलीस लॉक-अपांतल्या दरेका कक्षांत

दसोवंक जाय. अटक केल्ले व्यक्तीक पुलीस स्थानकार हाडटकच, ताका समजता अशे भाशेंत पुस्तिका वाचून दाखोवंक जाय.

(iv) जेन्ना पुलीस एकाद्रे व्यक्तीक लॉक-अपांत व्हरता तेन्ना पुलिसांनी लागसारच्या कायदेशीर मजत समितीक अशे अटकेची माहिती दिवंक जाय, जरी तो अशी कायदेशीर मजत घेवंक तयार आसलो जाल्यार राज्याच्या खर्चाचेर कायदेशीर मजत दिवंक रोखडीं पावलां उखलूंक जाय.

(v) मुंबई शारांत, शार दिवाणी न्यायालयाच्या प्रधान न्यायाधिशांनी नामनिर्देशीत केल्ले शार सत्र न्यायाधीश, शक्यतो बायल न्यायाधीश आसल्यार, अटक केल्ल्या व्यक्तींक तांच्यो तक्रारी मांडपाची संद तांकां उपलब्ध करून दिता आनी पुलीस लॉक-अपांतली परिस्थिती किदें आसा, गरजेच्यो सुविधा दितात काय ना, कायद्यांतल्यो तरतुदी पाळटा काय ना आनी निर्देशांचें पालन करतात काय ना हें पळोवपाक तांणी शारांतल्या पुलीस लॉक-अपाक वेळवार अचकीत भेट दिवंक जाय. पुलीस अधिकाऱ्यां कडल्यान कांय त्रुटी उरल्यार, शार सत्र न्यायाधीश तें पुलीस आयुक्तांचे नदरेक हाडून दितले आनी गरज पडल्यार गृह खात्याचे नदरेकूय हाडून दितले. हो दृश्टीकोणूय जरी अपेसी थारलो जाल्यार शार सत्र न्यायाधीश अश्या त्रुटीं कडेन महाराष्ट्राच्या उच्च न्यायालयाच्या मुख्य न्यायमुर्तींचें लक्ष वेदून घेतले. जिल्लो मुख्यालयांतल्या पुलीस लॉक-अपाच्या संदर्भांतले हे निर्देश संबंदीत जिल्ल्याचे सत्र न्यायाधीश करतले.

(vi) एखाद्रे व्यक्तीक अटक जातकच, पुलिसांनी तत्काळ ताचे अटके विशींची माहिती दिवंक ताका इत्सा आशिल्ल्या खंयच्याय सोयऱ्याचें वा इश्टाचें नांव घेवंक

जाय आनी पुलिसांनी असो सोयरो वा इश्टा कडेन संपर्क सादून ताचे अटके विशीं माहिती दिवंक जाय.

(vii) अटक केल्ले व्यक्तीक ज्या दंडाधिकाऱ्या मुखार हाजीर करतले, ते ताचे कडल्यान पुलीस कोठडींत छळ वा वायट वागणूक दिल्ल्याची तक्रार आसा जाल्यार ताची चवकशी करतले आनी ताका फौजदारी प्रक्रिया संहिता 1973 च्या कलम 54 प्रमाणें वैजकीय तपासणी करपाचो अधिकार आसा, हें कळयतले.

न्यायालयान सकयल दिल्लीं निरिक्षणां केल्लीं:

कायद्याचो वेवसाय हो उदात्त वेवसाय. संकश्टांत सांपडिल्ल्या लोकांक मजत करप हें वकिलाचें समाजा प्रती कर्तव्य आसा, खास करून कैदखान्यांत पडून संकटांत सांपडिल्ल्यो अस्तुऱ्यो. वकिलांनी सकारात्मक रितीन मनीस कुळयेच्या अशा घटकां मेरेन पावंक जाय, जे गरीब, अशिक्षीत आनी अज्ञानी आसात आनी जेन्ना एखाद्रो गुन्यांवाच्या आरोपान वा अटक वा बंदखण ह्या सारकेल्ल्या संकटांत आसता तेन्ना किदें करचें वा खंय वच्चें वा कोणा कडेन वच्चें हें तांकां खबर नासता. वकिलांनी संकटांत सांपडिल्ल्या लोकांची मजत करचे बदला तांचें शोशण करून तांकां लुटले जाल्यार विधी वेवसाय बदनाम जातलो आनी देशांतल्या लोकांचो वकिलां वयलो विस्वास व्हडा संख्येन ना जातलो आनी तें लोकशाय आनी कायद्याच्या शासना खातीर  मारक थारतलें.

न्यायनिवाडोः

मूळ अधिकारक्षेत्र; रीट याचिका (फौजदारी) क्र. 1982 चो 1053 -1054

(भारतीय संविधानाच्या अनुच्छेद 32 खाला.)

याचिकादारा खातीर खुर्शीद अहमद.

प्रतिवादी खातीर के. जी. भगत, अतिरिक्त सॉलिसिटर जनरल, व्ही. बी. जोशी आनी एम. एन. श्रॉफ

न्या. भगवती हांणी न्यायालयाचो न्यायनिवाडो दिलो. मुंबई शारांत पुलीस लॉक-अपांत आसतना बायल कैद्यांच्या कोठडींतल्या हिंसेची तक्रार करपी पत्रकार शीला बारसे हांणी बरयल्ल्या पत्राचेर ही रीट याचिका आदारून आसा. 11 ते 17 मे 1982 मजगतीं बंदखण म्हानिरिक्षकाचे परवानगीन मुंबई मध्यवर्ती कैदखान्यांतल्या पंदरा बायल कैद्यांची मुलाखत घेतिल्ली आनी तांचे पैकीं पांच कैद्यांनी पुलीस लॉक-अपांत पुलिसां कडल्यान मारहाण जाल्ल्याचें सांगिल्लें अशें याचिकाकर्तान आपल्या पत्रांत म्हणलां. याचिकाकर्तान पुलिसां कडल्यान मारहाण जाल्ल्याची तक्रार करपी पांच जाणां पैकीं, खास करून देवम्मा आनी पुष्पा पाईन ह्या दोगांनी पुलीस लॉक-अपांत आसतना जाल्ल्या मारहाण आनी छळा बद्दलच्या प्रकरणाचो उल्लेख केला. पुलीस लॉक-अपांत बायल कैद्यांक दिल्ले वायट वागणुकेच्या वेग-वेगळ्या आरोपांची आनी खास करून देवम्मा आनी पुष्पा पाईन हांचो केल्लो छळ आनी केल्ली मारहाण हांचे कडेन संबंदीत विंगड विंगड आरोपांची चवकशी करप हें हे रीट याचिकेच्या हेतून आवश्यक ना, कारण महाराष्ट्र राज्याचे वतीन विवादीत केल्ल्या ह्या आरोपांचे अचूकतेची चवकशी करपाचो आमचो प्रस्ताव ना. पूण, हे आरोप याचिकाकर्तान मुलाखत घेतिल्ल्या बायल कैद्यांनी

आनी खास करून देवम्मा आनी पुष्पा पाईन हांणी केल्ले आनी याचिकाकर्ता सारकेल्ली पत्रकार, बायल कैद्यांनी तिका सांगिल्ले आरोप ती आपूण जावन घडयतली वा फटीचे तयार करतली अशें मानपाचें कारण ना, म्हणून ह्या न्यायालयान याचिकाकर्ताचें पत्र रीट याचिका म्हणून ग्राह्य मानलें आनी महाराष्ट्र राज्य, बंदखण म्हानिरिक्षक, महाराष्ट्र, अधिक्षक, मुंबई मध्यवर्ती कैदखानो आनी पुलीस म्हानिरिक्षक, महाराष्ट्र हांकां याचिका मान्य किद्याक करची न्हय म्हणून कारणां दाखोवपी कळोवणी जारी केली. जांकां कारणां दाखोवपी कळोवणी जारी केल्ली तांचे पैकीं खंयच्याच पक्षाचे वतीन कारणां दाखोवपी कळोवणीचे परत येवपाचे नेमून दिल्ले तारखेर मेरेन प्रतिज्ञापत्र दाखल करूंक ना अशें दिसून येता आनी ताका लागून ह्या न्यायालयान याचिकाकर्ताच्या पत्रांत केल्ल्या आक्षेपाक जाप दिवपा खातीर महाराष्ट्र राज्य आनी हेर पक्षकारांक प्रतिज्ञापत्र दाखल करूंक मेळचें म्हणून रीट याचिकेची सुनावणी फुडें धुकल्ली. हे मजगतीं, ह्या न्यायालयान डॉ. (कु.) ए. आर. देसाई, संचालक समाज कार्य म्हाविद्यालय, निर्मला निकेतन, मुंबई हांणी मुंबई मध्यवर्ती कैदखान्याक भेट दिवन मुलाखतीच्या वेळार थंय हेर कोणूच उपस्थीत नासतना देवम्मा आनी पुष्पा पाईन सयत हेर बायल कैद्यांची मुलाखत घेवपाची आनी तांचो खंयच्याय प्रकारचो छळ वा तांची पिडापीड जाल्या काय ना हाची खात्री करून 30 ऑगस्ट 1982 दिसा वा ताचे पयलीं ह्या न्यायालयाक अहवाल सादर करपाचो निर्देश दिलो. डॉ. (कु.) ए.आर. देसाई हाचे कडेन सोंपयल्ली ही जापसालदारकी निभावपाची म्हणून राज्य सरकार आनी बंदखण म्हानिरिक्षक हांणी सगळ्या सुविधांची पुरवण करपाचो निर्देश दिलो. डॉ. (कु.) ए.आर. देसाई हांकां हें कार्य नेमून दिवपाचो उद्देश म्हणल्यार याचिकाकर्ताच्या पत्रांत सांगिल्लें प्रमाणें छळ आनी

पिडापीड केल्ल्याचे आरोप देवम्मा आनी पुष्पा पाईन हांचे सयत बायल कैद्यांनी याचिकाकर्ता कडेन केल्यात काय आनी अशा आरोपांच्या संदर्भांत सत किदें आसा हाची तपासणी करप. ह्या न्यायालयाच्या आदेशा प्रमाणें डॉ. (कु.) ए. आर. देसाई हांणी मुंबई मध्यवर्ती बंदखणीक भेट दिली आनी थंय कैद आशिल्ल्या बायल कैद्यांची मुलाखत घेवन ह्या न्यायालयाक सविस्तर अहवाल सादर केलो. बायल कैद्यांची समस्या आनी अडचणींची माहिती दिवपी हो अहवाल लक्ष ओडून घेवपी आनी उपदेशात्मक समाजीक–कायदेशीर दस्तावेज आसा आनी डॉ. (कु.) ए. आर. देसाई हांणी इतलो बारीकसाणेन आनी आकलनीय अहवाल सादर करतना घेतिल्ल्या त्रासा बद्दल आमी उपकार मानूंक जाय. मुंबई मध्यवर्ती कैदखानो वा महाराष्ट्रांतल्या हेर कैदखान्यांतले परिस्थिती कडेन आमचो थेट संबंद ना, कारण याचिकाकर्ताच्या पत्रांतलो प्राथमीक प्रस्न पुलीस लॉक-अपांतल्या बायल कैद्यांचे सुरक्षीतते कडेन आनी छळ आनी पिडापिडे पासून संरक्षण दिवपा संबंदीत आसा. तरीय पूण, आमी महाराष्ट्राच्या बंदखणींच्या म्हानिरिक्षकांक डॉ. (कु.) ए. आर. देसाई हांणी तयार केल्लो हो अहवाल पळोवपाची शिफारस करतले आनी मुंबई मध्यवर्ती कैदखानो आनी महाराष्ट्रांतल्या हेर कैदखान्यांची स्थिती सुदारपा खातीर आनी बायल कैद्यांची जीण सहन करपा योग्य करूंक आनीक किदें पावलां उखलपाची गरज आसा काय किदें हाचेर विचार करतले. हे रीट याचिकेंत फकत एकच मुद्दो आसा जाचे बद्दल आमी निर्देश दिवंक इत्सूक आसात आनी तो म्हणल्यार फकत बायल कैद्यांकूच न्हय तर महाराष्ट्रांतल्या कैदखान्यांनी आशिल्ल्या सगळ्या कैद्यांक कायदेशीर मजतीची पुरवण करप गरजेची आसा, अशें हे याचिकेंत म्हणलां. ह्या न्यायालयाक हाचे आदीं संद मेळळ्या तेन्ना तशेंच न्यायालयान दिल्ल्या कितल्याशाच

निर्णयांनी स्पश्ट केलां की, एकाद्रो गरीब वा गरजू आरोपी, जाका अटक करून ताचो जीव वा वैयक्तीक स्वतंत्र्य धोक्यांत हाडलां, ताका कायदेशीर मजत दिवप ही फकत अनुच्छेद 39 वरवींच न्हय तर संविधानाच्या अनुच्छेद 14 आनी अनुच्छेद 21 वरवीं लेगीत सक्तीची घटनात्मक आवश्यकता आसा. न्याय मेळोवपाचे बाबतींत तें गरजेचें आसा आनी जंय तें दिना, थंय अन्याय जावपाची शक्यताय आसता आनी न्हयकारूंक जायना अशे रितीन अन्यायाचे दरेकी कृतीन लोकशाय आनी कायद्याच्या शासनाचे बुन्यादीचो दर्जो देंवपाची शक्यताय आसा, कारण अन्यायाचे भावने परस मनशाच्या अंतस्करणाक दुसरें किदेंय दुखना आनी जांकां त्रास सहन करचो पडटा आनी जांकां कायदेशीर वेवस्थेंतल्यान किंमत मेजची पडिल्ल्यान न्याय मेळूंक शकना तांचो कायदेशीर कारवाये वयलो विस्वास उडून वता आनी लोकशाय आनी कायद्याचें शासन हें फकत गिरेस्त आनी शक्तिशाली लोकांचें वर्चस्व कायम दवरूंक आनी सत्ता स्थापणुकेचें आनी निहीत सुवार्थांचें रक्षण करपाच्या हेतून केल्ल्यो घोशणा काल्पनीक कथा आसात, अश्यो भावना तांच्या मनांत निर्माण जावंक लागतात. कैदखान्यांत बंद आशिल्ल्या कैद्यांच्या असहाय्य स्थितीची कल्पना करात, जो तांच्या संरक्षकाच्या हातांतल्यान जाल्लो छळ आनी पिडापीड आनी त्रास हाचे विरुद्ध स्वताचें संरक्षण करपा खातीर वा ताचें सत्यत्व स्थापीत करूंक वा घटनात्मक वा कायदेशीर अधिकारांच्या रक्षणा खातीर कोणा कडेन मजत मागची हें ताका खबर लेगीत नासता. ताका वा ताच्या कुटुंबांतल्या वांगड्याक हेर समस्या आसूंक शकतात, जाका कायदेशीर सहाय्यतेची गरज आसतली, पूण ताका बंदखणींत बंद दवरिल्ल्यान, ताका वा ताच्या कुटुंबांतल्या वांगड्यांक योग्य कायदेशीर सल्लो वा मजत मेळोवप अशक्य न्हय पूण कठीण जावंक शकता,  हाची लेगीत

शक्यताय आसा. ताका लागून कैदखान्यांतल्या कैद्यांक कायदेशीर मजत उपलब्ध करून दिवप गरजेची आसा, मागीर ते न्याय चवकशी अधीन कैदी आसूं वा सिद्ध अपराधी कैदी आसूं.

बायल कैद्यांक कायदेशीर मजत पुरवण करूंक फावो तशी वेवस्था ना आनी आमी सांगपाचें धाडस करतात की बायल कैद्यांक कायदेशीर मजत पुरवण करपाचे बाबतींत जी परिस्थिती प्रचलीत आसा तीच परिस्थिती दादलो कैद्यांचे बाबतींत आसूंक जाय अशें डॉ. (कु.) ए. आर. देसाई हांचो अहवाल दाखोवन दिता. मुंबई मध्यवर्ती कैदखान्यांत दोन कैदी, एक 'जर्मन' नागरीक आनी दुसरी 'थाय' नागरीक हांची मोहन अजवानी नांवाच्या वकिलान फसवणूक करून जर्मन नागरिकाचें अर्दें सामान आनी आपले फीचे फारीकणी खातीर म्हणून थाय नागरिकाच्यो वस्तू आनी दागिने आपले कडेन दवरता अशें सांगून अफरातफर केली. 'जर्मन' आनी 'थाय' ह्या दोन बायल कैद्यांनी केल्ले आरोप खरे आसात काय ना हें आमकां खबर ना, पूण जरी हें खरें आसलें जाल्यार ह्या वकिली वेवसाया खातीर ही सामकी लजेची गजाल आसा आनी ताची खोलायेन चवकशी करपाची गरज आसा अशें डॉ. (कु.) ए. आर. देसाई हांच्या अहवालांत नमूद केलां. कायद्याचो वेवसाय हो एक उदात्त वेवसाय आसा, जाका सदांच समाजीक सेवेचो एक फांटो मानला आनी संकश्टांत सांपडिल्ल्या लोकांक मजत करप, खास करून संकश्टांत सांपडिल्ल्यो आनी बंदखणींत आशिल्ल्यो बायलो हांची मजत करप हें एकाद्र्या वकिलाचें समाजा प्रती कर्तव्य आसा. कायदो हो कायदे मंडळान तयार केल्ल्या नेमांचो फकत यांत्रिकी अर्थ लावचे पुरतोच मर्यादीत नासता, तर तो चड करून मनीस कुळयेच्या

अस्तित्वाचे गर्देचो मेकळो मार्ग आसता हें वकिलांनी लक्षांत दवरूंक जाय. हे गर्दैत खुबशा जाणांक त्रास जाल्यात आनी समर्पण आनी सेवेचे भावनेन त्रास जाल्ल्या लोकांक मजत करप, हें वकिली वेवसायाचें कार्य आसा. कायदेशीर मजती शिवाय आजुनूय जे बळी पडटात अशा लोकांची संख्या कमी करप, हें वकिलांचें काम आसा. जे गरीब, अशिक्षीत आनी दुर्लक्षीत आसात आनी जांकां जेन्ना गुन्यांव वा अटक वा बंदखण सारकेल्ल्या संकश्टांत घालतात, तेन्ना तांकां किदें करप, खंय वचप वा कोणा कडेन वचप हें कळना, अशा वेळार मनीसपणाच्या दृश्टीकोणांतल्यान वकिलांनी सकारात्मक भावनेन तांचे मेरेन पावप गरजेचें आसा. जरी वकिलांनी संकश्टांत सांपडिल्ल्या लोकांचे मजतीक फुडें येवचे सोडून तांचें शोशण करून तांचो गैरफायदो घेतलो जाल्यार वकिली वेवसाय बदनाम जातलो आनी देशांतल्या लोकांचो वकिलां वयलो व्हडा प्रमाणांत विस्वास उडून वतलो आनी तें लोकशाय आनी कायद्याच्या शासना खातीर विनाशकारी थारतलें. 'जर्मन' आनी 'थाय' ह्या दोन बायल कैद्यांक मोहन अजवानी हांणी आदीं सांगिल्ले प्रमाणें वागणूक दिल्या हें खरें आसलें जाल्यार ह्या प्रस्नाचेर आमचें खंयचेंच एकतर्फी मत आमी व्यक्त करूंक इत्सूक ना, पूण हें कृत्य तिव्र निशेधाक पात्र आसा. ताका लागून डॉ. (कु.) ए. आर. देसाई हांच्या अहवालाच्या परिच्छेद 9.2 त सांगिल्ल्या प्रमाणें, जर्मन आनी थाय ह्या दोन बायल कैद्यांनी केल्ल्या आरोपां बाबतींत ती कारवाय करचे खातीर महाराष्ट्र राज्य बार कावन्सीला कडेन संदर्भीत करूंक शकता.

पूण, ही घडणूक, कैदखान्यांतल्या कैद्यांक कायदेशीर मजत पुरवण करपा खातीर यंत्रणेची स्थापणूक करपाची गरज आसा हें अधोरेखीत करता. सुदैवान महाराष्ट्र

राज्यांत महाराष्ट्र राज्य कायदेशीर मजत आनी सल्लो मंडळाच्या फुडारपणा खाला कायदेशीर मजत संघटणां स्थापन केल्यात आनी तांणी उच्च न्यायालय आनी जिल्लो पांवड्यार समित्यो स्थापन केल्यात. ताका लागून आमी महाराष्ट्र बंदखण म्हानिरिक्षकांक महाराष्ट्रांतल्या सगळ्या पुलीस अधिक्षकांक एक परिपत्रक जारी करपाचे निर्देश दितातः-

(1) जंय कैदखानो आसा त्या जिल्ल्याच्या कायदेशीर मजत समितीक न्याय चवकशी अधीन सगळ्या कैद्यांची वळेरी दिवप, जातूंत बंदखणींतल्या कैद्यांच्या प्रवेशाची तारीख आनी तांचेर लायिल्ल्या गुन्यांवांच्या आरोपांची शक्य जाता तितली सविस्तर माहिती दिवप आनी दादलो आनी बायल कैद्यांची वेग-वेगळी वळेरी धाडप.

(2) फौजदारी प्रक्रिया संहितेच्या 41 कलमा खाला दुबावीत म्हणून अटक केल्ल्यो व्यक्ती, ज्यो 15 दिसां परस चड काळ कैदखान्यांत आसात अशी माहिती दिवपी वळेरी संबंदीत जिल्लो कायदेशीर मजत समितीक दिवप.

(3) संबंदीत जिल्लो कायदेशीर मजत समितीन नियुक्त केल्ल्या वकिलांक कैदखान्यांत प्रवेश करूंक आनी ज्या कैद्यांनी तांची मजत घेवपाची इत्सा व्यक्त केल्या त्या कैद्यांची मुलाखत घेवपाची सुविधा पुरोवप.

(4) संबंदीत जिल्लो कायदेशीर मजत सेवा समितीन नियुक्त केल्ल्या वकिलांक कैदखान्यांतल्या कैद्यांची आवश्यक ती माहिती दिवप.

(5) संबंदीत जिल्लो कायदेशीर मजत सेवा समितीन नियुक्त केल्ले वकील विशिश्ट दिसा कैदखान्याक भेट दितले आनी ज्या कैद्यांक तांची मजत घेवची

आसा ते कैदी तांकां मेळूंक शकतले आनी तांच्या सल्ल्यान सेवांचो लाभ घेवंक शकतले अशी सुचोवणी कैदखान्याच्या मुखेल सुवातींचेर लावप.

(6) संबंदीत जिल्लो कायदेशीर मजत सेवा समितीन नियुक्त केल्ल्या वकिलां कडेन मुलाखत घेवंक आनी भेट घेवपाची इत्सा आशिल्ल्या खंयच्याय कैद्याक कायदेशीर मजतीची गरज आशिल्ल्या खंयच्याय प्रकरणा बाबतींत मुलाखतीची परवानगी दिवप, जी मुलाखत कैदखानो अधिकाऱ्याचे नदरे मुखार जातली पूण आयकूंक येवची ना अशी आसूंक जाय.

आमी बंदखणीच्या म्हानिरिक्षकांक दिल्ल्या ह्या निर्देशांची प्रभावी रितीन अंमलबजावणी करपा खातीर, महाराष्ट्र राज्य कायदेशीर मजत आनी सल्लो मंडळ, ज्या जिल्ल्यांत बंदखण आसा त्या जिल्ल्यांच्या जिल्लो कायदेशीर मजत समित्यांनी जिल्लो न्यायालयांत वकिली करपी नामनिर्देशीत वकिलांक कमीत कमी पंद्रशींत एकदा तरी जिल्ल्यांतल्या कैदखान्याक वा कैदखान्यांक भेट दिवपाचें सुचीत करतले, जाका लागून सर्वोच्च न्यायालय आनी महाराष्ट्राच्या उच्च न्यायालयांत जामीन अर्ज करपाच्या अधिकारा सयत कैद्यांच्या अधिकारां बाबत आनी कायदेशीर मजत मेळोवपाचो अधिकार योग्य प्रकारान आनी प्रभावी रितीन अंमलांत हाडटात काय ना हाची खात्री करप आनी ज्या कैद्यांनी कायदेशीर सहाय्य मेळोवपाची इत्सा व्यक्त केल्या तांची मुलाखत घेवप आनी तांकां आवश्यक ते प्रमाणें कायदेशीर सहाय्य दिवप आनी जामीन वा अभिवचन रजेचेर (पॅरॉल) कैद्याक सोडपा खातीर अर्ज करप वा तांकां न्यायालयांत फावो त्या कायदेशीर प्रतिनिधित्वाची खात्री दिवप, दोशसिद्ध आनी कायदेशीर सहाय्य

हांच्या विरोधांत अपील वा पुनरिक्षण अर्ज दाखल करप आनी तयार करप आनी तांकां वा तांच्या कुटुंबाच्या वांगड्यांक जावपी हेर समस्यांचेर सल्लो दिवप. आमी दिल्ल्या ह्या निर्देशांची अंमलबजावणी योग्य रितीन करता हाची खात्री करपा खातीर महाराष्ट्र राज्य कायदेशीर मजत आनी सल्लो मंडळ जिल्लो कायदेशीर मजत समित्यां कडल्यान नेमान अहवाल मागयतले. आमी महाराष्ट्र राज्य कायदेशीर मजत आनी सल्लो मंडळाक, कैदखान्याच्या दरेकी भेटी खातीर दरेका वकिलाक कोर्ट हावज ते कैदखानो आनी परत वचपाच्या फावो त्या प्रवास खर्चा सयत 25 रुपया मानधन दिवपाचे निर्देश दितले. मुंबई शारांत जिल्लो कायदेशीर मजत समित्यो नाशिल्ल्यान जिल्लो कायदेशीर मजत समितीचे सुवातेर उच्च न्यायालय कायदेशीर मजत समितीची स्थापणूक करून हे निर्देश अंमलांत हाडटले. तमिळनाडू राज्य कायदेशीर मजत समिती आनी सल्लो मंडळान ही प्रक्रिया आपणायल्या देखून कैदखान्यांतल्या कैद्यांक व्हडा प्रमाणांत लाभ जाता.

पुलीस लॉक-अपांत बायल कैद्यांक संरक्षण कशें दिवंक मेळटलें ह्या प्रस्नाचेर आतां आमी विचार करुया. सुनावणी मजगतीं याचिककाकर्ता आनी महाराष्ट्र सरकाराच्या मार्फत उपस्थीत आशिल्ल्या विद्वान वकिलांक आमी सुनावणी मजगतीं जायत्यो सुचोवण्यो दिल्यो आनी न्यायालयांत अर्थपूर्ण आनी रचनात्मक चर्चा जाली. पुलीस लॉक-अपांत आशिल्ल्या बायल कैद्यांच्या संदर्भांत मार्गदर्शक तत्वांची आंखणी करूंक महाराष्ट्र सरकारान न्यायालयाक पुराय सहकार्य करपाची तयारी दाखयल्या आनी आमी केल्ल्यो चडश्यो सुचोवण्यो महाराष्ट्र सरकारान स्विकारल्यात. आमचे मुखार युक्तीवाद केल्ल्या प्रस्नाच्या

संदर्भांत वेग-वेगळ्या पैलूंचेर जाल्ल्या अर्थपूर्ण आनी रचनात्मक विवादाच्या निकालाक धरून आमी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें निर्देश दिवपाचो प्रस्ताव दवरतात.

(i) जंय बायल दुबावितांक दवरूंक जाय अशा फावो ते बऱ्यो सुविधा आशिल्ल्या चार वा पांच लॉक-अपांची बरे वस्तींत निवड करची आनी ताका बायल शिपायांचें संरक्षण आसचें अशें आमी निर्देश दितात. दुबावीत दादल्यांक ज्या लॉक-अपांत दवरतात, त्या पुलीस लॉक-अपांत बायल दुबावितांक दवरूंक जायना. महाराष्ट्र सरकारान जंय दुबावितांक दवरल्यात थंय आदींच तीन कोठड्यो आसात आनी बायल शिपायां वरवीं ताचेर नदर दवरतात आनी अशेच प्रकारचे वेवस्थे सयत आनीक तीन कोठड्यो फकत बायल दुबावितां खातीर उपलब्ध करतले अशें महाराष्ट्र सरकारान आमकां कळयलां.

(ii) बायल पुलीस अधिकारी/ कॉन्स्टेबलाचे उपस्थितींतच बायलांची चवकशी करची अशे निर्देश आमी दितात.

(iii) जेन्ना एकाद्रे व्यक्तीक पुलिसांनी वॉरण्टा शिवाय अटक केल्या, तेन्ना ताका ताचे अटकेचें कारण ताबोडतोब कळोवंक जाय आनी दरेका वेळार अटक जाले उपरांत अटकेंतले व्यक्तीक ताका जामिना खातीर अर्ज करपाचो अधिकार आसा, हें ताबोडतोब कळोवंक जाय. महाराष्ट्र राज्य कायदेशीर मजत समिती आनी सल्लो मंडळान अटक केल्ले व्यक्तीचें कायदेशीर हक्काची एक पत्रिका ताबोडतोब तयार करची आनी महाराष्ट्र राज्यान हे पत्रिकेच्यो मराठी जी महाराष्ट्रांतल्या लोकांची भाशा आसा अशे भाशेंत तशेंच हिन्दी आनी इंग्लीश

भाशेंत फावो तितल्या प्रमाणांत प्रती छापून ते पत्रिकेच्यो छापिल्ल्यो प्रती दरेका पुलीस लॉक-अपाच्या दरेका कक्षांत दसोवच्यो तशेंच अटक केल्ले व्यक्तीक पुलीस स्थानकाचेर हाडल्या उपरांत सोमतेच तीन भाशां पैकीं ताका समजतले अशे खंयचेय भाशेंत ताका वाचून दाखोवची.

(iv) जेन्ना एकाद्रे व्यक्तीक पुलीस अटक करता वा लॉक-अपांत दवरता तेन्ना ते अटकेची माहिती लागसारचे कायदेशीर मजत समितीक दिवंक जाय आनी अटक जाल्ली व्यक्ती कायदेशीर मजत समिती वरवीं कायदेशीर मजत स्विकारपाक तयार आसा जाल्यार कायदेशीर मजत समिती वरवीं ते व्यक्तीक सरकारी खर्चान कायदेशीर मजतीची पुरवण करूंक आवश्यक पावलां उखलपाक जाय अशेंय निर्देश दिवंक आमी इत्सूक आसात. हे दिकेन काम करपा खातीर संबंदीत कायदेशीर मजत समितीक राज्य सरकार आवश्यक निधीची पुरवण करतले.

(v) मुंबई शार दिवाणी न्यायालयाच्या मुख्य न्यायाधिशांनी नामनिर्देशीत केल्ल्या शार सत्र न्यायाधिशांनी, खास करून जरी बायल न्यायाधीश आसली जाल्यार, अटक केल्ल्या व्यक्तींक तांच्यो तक्रारी मांडपाची संद मेळची आनी पुलीस लॉक-अपांत स्थिती किदें आसा आनी कायद्याच्या तरतुदींचें पालन करतात काय ना, आवश्यक सुविधांची पुरवण जाता काय ना आनी आमी दिल्ल्या निर्देशांचें पालन जाता काय ना हें जाणून घेवपा खातीर, तांणी नेमान शारांतल्या पुलीस लॉक-अपांक भेट दिवंक जाय. तपासणीचे शेवटाक पुलीस अधिकाऱ्यां कडल्यान कसल्योय त्रुटी उरल्यो जाल्यार, शार सत्र न्यायाधीश

त्या पुलीस आयुक्तांक ताचे बद्दल जाणीव करून दितले आनी गरज आसल्यार गृह विभागाक ताची जाणीव करून दिवची आनी हो दृश्टीकोण अपेशी थारल्यार शार सत्र न्यायाधीश महाराष्ट्राच्या उच्च न्यायालयाच्या मुख्य न्यायाधिशांचें लक्ष त्या त्रुटीं कडेन वेदून घेतले. जिल्लो मुख्यालय पुलीस लॉक-अपा संदर्भांत ह्या निर्देशांचें पालन संबंदीत जिल्ल्याच्या न्यायाधिशां कडल्यान जावंक जाय.

(vi) एखाद्रे व्यक्तीक अटक केल्या उपरांत, पुलिसांनी ताबोडतोब ताका आपले अटकेची माहिती दिवंक जाय अशा ताच्या खंयच्याय सोयऱ्याचें वा इश्टाचें नांव ताचे कडल्यान घेवचें आनी पुलिसांनी ताच्या अशा सोयरो वा इश्टा कडेन संपर्क सादून ताचे अटकेची माहिती तांकां दिवची अशें्य निर्देश आमी दितात.

(vii) अटक केल्ले व्यक्तीक ज्या दंडाधिकाऱ्या मुखार हाजीर करता, तांणी अटक केल्ले व्यक्तीक पुलीस कोठडींत अत्याचार वा वायट वागणुकेची तक्रार आसा काय, हाची चवकशी करची आनी ताका फौजदारी प्रक्रिया संहिता 1973 च्या 54 कलमा खाला वैजकीय तपासणी करपाचो अधिकार आसा अशें कळोवचें अशे निर्देश दितात. फौजदारी प्रक्रिया संहिता 1973 च्या 54 कलमा खाला ते व्यक्तीचे विनवणी वयल्यान वैजकीय वेवसायिका वरवीं अटक केल्ले व्यक्तीची तपासणी करपाची तरतूद आसा आनी अटक केल्ले व्यक्तीक दिल्लो हो अधिकार आसा, हें आमकां खबर आसा. पूण बरेच फावटीं अटक केल्ले व्यक्तीक ह्या अधिकाराची जाणीव नासता आनी जरी पुलीस लॉक-अपांत ताचो छळ केला वा ताका वायट वागणूक दिल्या आसली तरी ताच्या

अशा अज्ञानाक लागून तो हो अधिकार वापरूंक शकना. ह्या कारणाक लागून अटक केल्ले व्यक्तीक पुलीस कोठडींत छळ वा वायट वागणुकेची कसलीय तक्रार आसल्यार ताका वैजकीय तपासणेचो अधिकार आसा हाची माहिती दिवची अशे आमी दंडाधिकाऱ्यांक विशिश्ट निर्देश दितात.

आमी दिल्ल्या सुचोवण्यांचें सक्तीन पालन जाता जाल्यार पुलीस लॉक-अपांत आशिल्ल्या कैद्यांक फावो तशें संरक्षण मेळटलें आनी तांचो जावपी छळ वा वायट वागणुके सावन तांकां संरक्षण मेळटले हाचे विशीं आमकां मातूय दुबाव ना. ह्या आदेशा प्रमाणें रीट याचिका निकालांत काडली.

पी. बी. आर.

***अस्विकरण***

*ह्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी भाशेंतल्या ह्या अणकाराचो वापर हो पक्षकाराक ताचे/तिचे मायभाशेंत ताचो अर्थ समजून घेवपा पुरतोच मर्यादीत आसतलो आनी ताचो हेर खंयच्याच कारणा खातीर वापर करूंक मेळचो ना, तशेंच इंग्लीश भाशेंतलो न्यायनिर्णय होच सगळ्या वेव्हारीक आनी कार्यालयीन वापरा खातीर विश्वासनीय आसतलो आनी*

तोच तातूंतल्या आदेशाच्या कार्यान्वयन आनी अंमलबजावणे खातीर वैध मानतले.

**TRANSLATED BY DIRECTORATE OF OFFICIAL LANGUAGE, PANAJI, GOA**